नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :03/12/2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 pm

मुखेल खबरो

म्हजे घर येवजण दर एकल्याच्या घरा मेरेन पावोन फुडले वेंचणुके मेरेन दर एकल्याच्या नावाचेर घर जातले, अशें आस्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिलां.

पोरणे गोंय चर्चीत सेंट फ्रान्सीस झेवीयर हांचे फेस्त व्हडा उमेदीन मनयले.

दिव्यांग लोकांक समान वागणूक दिल्यारच समाजाची खऱ्या अर्थान उदरगत जावंक शकता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणलां.

शिकपाची प्रक्रिया सोपी करपा खातीर दरेक शाळेन तंत्रगिन्यानाचो वापर करप म्हत्वाचें आसा अशें शिक्षण संचालनालयाचे उपसंचालक सिंधु प्रभुदेसाय हांणी सांगलें

म्हजे घर येवजण दर एकल्याच्या घरा मेरेन पावोन फुडले वेंचणुके मेरेन दर एकल्याच्या नावाचेर घर जातले, अशें आस्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिलां. घर नावार जाल्यार विरोधकांच्या पोटात कित्याक दुखता हे विशीं विरोधकांक प्रचारावेळार जाप विचारपाचे आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले.खोर्ली मतदारसंघाचे उमेदवार सिद्धेश श्रीपाद नायक हांचे प्रचाराचो शुभारंभ मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जालो. हे वेळार आमदार राजेश फळदेसाय, उमेदवार सिद्धेश श्रीपाद नायक आनी हेर कार्यकर्ते हाजीर आशिल्ले.राज्यात सध्या डबल इंजीन सरकार आसा. दोनूय जिल्हा पंचायतीचेर झेंडो लावन ते ट्रिपल इंजीन जावपाची गरज आसा. हाचे खातीर दर एकल्यान 20 डिसेंबराक भाजप उमेदवाराक मत मारचे, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले. हे वेळार कुंभारजुवेचे आमदार राजेश फळदेसाय आनी उमेदवार सिद्धेश नाईक हांची भाशणा जाली. भारतीय जनता पक्षाचे फुडारी वा उमेदवार हे पयशें करपाक राजकारणात येवक ना. ते जनतेची सेवा करपाक आयल्या. हाका लागून गृह आदार, लाडली

लक्ष्मी अशो कल्याणकारी येवजण्यो सुरू जाल्या. कल्याणकारी येवजण्यो नेटान चालीक लावपा सयत उदरगती खातीर भाजपाक मतदान करपाचे आवाहन मुखेलमंत्र्यांनी केले.

St. fransic xavier च्या फेस्ताक आयज गोयासयत संसारभरातल्या भाविकांनी व्हडा आकड्यान हाजेरी लायील्ली. हयावेळार ख्रिस्ती धर्माप्रमाण धर्मिक विधी सयत प्रार्थनेची मिसा जाली. हया वेळार गोंयां सयत सिंंधुदुर्ग, बेळगाव, कोल्हापूर वाठारातल्या भाविकानी फेस्ताक हाजेरी लायली. ST fransic xavier चे फेस्त संसारभर गोंयच्या सायबाचे फेस्त म्हण फामाद आसा.हयावेळार ओक्सीलरी बिशप सिमियाओ फर्नांडीस ,गोंयचो आर्चबिशप कार्डिनल फिलीप नेरी फेराव, पोर्ट ब्लेअरचो बिशप-एमेरिटस ॲलेक्स डायस आनी हेर पाद्रीनी मिसाक हजेरी लायिल्ली.अंदूं सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या नोवेना आनी फेस्त“विस्वास आमकां निराश करिना, देखून सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या सारके आमी आशेचे यात्रेकरू जावया. हया संकल्पनेचेर आधारीत आशील्लो अशी म्हायती हयावेळार आर्चबीशप फीलीप नेरी फेर्राव हांणी भिविकांक दील्या.सैम साबाळात,ताची कुयदात घेयात ,मनशान स्वतच्या सुवार्थाक लागुन धरतरेचो ,सैमाचो इबाड सुरू केला.हे सगळे बंद जावपाची गरज आसा.संसारभर चलील्ली ही बाब गोयात लेगीत दीश्टीक पडटा.दोंगोर कापप,झाडा मारप,उदरगतीच्या नावान गरज नाशील्ले व्हड प्रकल्प,कोयराचो प्रस्न,उदक आनी वाऱ्याचे प्रदुशण, हया सगळ्या क लागुन सृश्टी पेड्यार जावपाक लागला.सृश्टीचे रूप नवे करूंक सृश्टीक साबाळपाक जण एकल्यान मुखार येवप गरजेचे असो संदेश मिसावेलर दिलो .मोगान वागुन संसारातलो एकचार तिगोवन दवरया असोय संदेश हयावेळार दीला.फेस्ताची फेरी वर्सा पद्धतीप्रमाण व्हडा प्रमाणात हयावर्सा लेगुत भरील्ल्याचे हयावेळार दीश्टी पडले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, आमदार विजय सरदेसाय, आदले मुखेलमंत्री चर्चील आलेमाव तशेच हेर मंत्री, फुडाऱ्यांनी फेस्ताक हाजेरी लायली. भाविकां खातीर आवश्यक त्या सुविदांची वेवस्था फेस्ता खातीर सरकारन केल्या. हे फेस्ता निमतान सगळ्या धर्माचे लोक चर्चीत येता, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांंणी सांंगलें

शिकपाची प्रक्रिया सोपी करपा खातीर दरेक शाळेन तंत्रगिन्यानाचो वापर करप म्हत्वाचें आसा अशें शिक्षण संचालनालयाचे उपसंचालक सिंधु प्रभुदेसाय हांणी सांगलें. कुर्टी - फोंडां हांगा सरल्या दादा वैद्य हायस्कूलाच्या स्मार्ट क्लासाचें उक्तावण केल्या उपरांत त्यो उलयताल्यो. दादा वैद्य हायस्कुलाच्या शिक्षकांनी आपल्या शाळे खातीर स्मार्ट बोर्ड दिल्ल्या खातीर तिणें शिक्षकांची तोखणाय केली. आतां शिक्षकांक शिकोवपा खातीर तंत्रगिन्यान आपणावचें पडटलें अशेंय तिणें शिक्षकांक सांगलें. अमेय विद्याप्रसारक मंडळाचे अध्यक्ष

संदीप खांडेपारकर, सचीव भार्गव कोर्डे, कोषाध्यक्ष मयुरेश खवंटे , व्यवस्थापक सुभाष जाण मुख्याध्यापिका सुषमा पाटील आनी वेवस्थापनाचे हेर वांगडी तशेंच शिक्षक आनी विद्यार्थी व्हड प्रमाणांत ह्या सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले

आज अंतर्राष्ट्रीय दिव्यांगजन दिस मनयतात. दिव्यांग लोकांक समान वागणूक दिल्यारच समाजाची खऱ्या अर्थान उदरगत जावंक शकता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणलां. नवी दिल्लींत दिव्यांग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार भेटवण सुवाल्यात त्यो उलयताल्यो

मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग दिसा निमतान दिव्यांगांक स्वाभिमान, सुलभताय आनी समान संदी सुनिश्चीत करपाच्या सरकाराच्या संकल्प पुष्टी केली . दिव्यांग व्यक्तींनी आपल्या सृजनशीलतायेन आनी निर्धारान विंगड विंगड क्षेत्रांनी उत्कृश्ट कामगिरी केल्याअशे ताणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हला

भलायकी सचीव श्री यतींद्र मरलकर हांच्या अध्यक्षते खाला राज्य कार्यदळ समितीच्या नियमित लसीकरण आनी पल्स पोलियो कार्यावळी खातीर बसका जाली. ह्या बसकेंत नियमित लसीकरण कार्यावळीची स्थिती, एमआर निर्मूलन आनी निरिक्षण हांचो नियाळ घेतलो आनी राष्ट्रीय लसीकरण दिसा खातीर तयारी करपा विशीं चर्चा जाली.हे बसकेंत भलायकी संचालक डॉ रूपा नायक, राज्य इम्युनायझेशन अधिकारी डॉ.उत्तम देसाय आनी समितीचे हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले.

सरकारान संचार साथी ॲपाची वाडती स्वीकृताय मतींत घेवन मोबायल फोन निर्मात्यांनी हो ॲप प्री-इन्स्टॉल करप सक्तीचें ना अशें थारायलां. नागरिकांक खंयच्याय वेळार हो ॲप अनइन्स्टॉल करपाक मेळटा अशें सरकारान स्पश्ट केलां. हो ॲप सुरक्षीत आसा आनी ताचो हेत लोकांची सायबर गुन्यांवांतल्यान राखण काराप हो आसा अशें मंत्रालयान सांगलां.
मजगती
केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज विरोधकांनी केल्ले हेरगिरीचे आरोप न्हयकारले आनी संचार साथी ॲपा वरवीं हेरगिरी करप शक्य ना अशें सांगलें.

गोयात मुख्य वेचणूक अधिकारी (सीईओ) कार्यालयान सोमारा जाहीर केले की, दनपारा ४ मेरेन, एकूण११,७०,२६७ गणना फॉर्म - जे राज्याच्या मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (एसआयआर) चो भाग म्हणून सध्याच्या ११,८५,०३४ मतदारांपैकी ९८.७५% आसात - ते एकठाय केलात आणि त्यांचे डिजिटायझेशन केला. मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, गणना फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११दिसिम्बेर मेरेन

वाड्यल्या . अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्मvoters.eci.gov.in या वेबसाइटर मतदार पोर्टलावरवी ऑनलाइनसादर करू शकतात.

गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 9 ते 11 जानेवारी 2026 मेरेन कांपाल मैदानाचेर अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन केला . गोंयचे विद्यार्थ्यी आनी सर्वसामान्य लोकांक नुस्तेंमारी वेवसायाविशी शिक्षणीक आनी तंत्रज्ञानाचो अणभव करून दिवपा खातीर दर वर्सा विशेश पद्दतीन हो महोत्सव आयोजीत करतात. महोत्सवात वेगवेगळ्या जातींचे नुस्तें आनी सागरी

जीवांवळींच्या प्रदर्शना सयत विंगड विंगड सर्ती, खाणां-जेवणांचे स्टॉल्स, लोकनाच आनी हेर मनरीजवनिच्या कार्यावालीचो आस्पाव आसतालो .नुस्तेमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच युवकांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्वा गोवा मेगा फिश

महोत्सवाचो उद्देश आसा. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसा लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सवयशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेमारी संचालनालयान

मागला

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३२.३ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे तापमान २१.८ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.फुडले काय दिस

राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

अभिनव तेजराणा आनी कर्णधार सुयश प्रभुदेसाय हांच्या वेगान अर्दशतकांच्या जोरार गोंयान सैयद मुश्ताक अली टी-20 क्रिकेट सर्तीच्या लीग मॅचींत मध्य प्रदेशाक 7 विकेटींनी हारयलो.

गोय क्रिकेट संघटनेन  विजय मर्चंट 16 वर्सा सकायल्या क्रिकेट सर्तीखातीर गोंयचो पंगड जाहीर करून विनीत कामत हाका कर्णधार म्हणून वेंचून काडला.

प्रसार भारतीन  दूरदर्शन आनी आकाशवाणी पणजीच्या खबराविभागाखातीर कॉपी एडिटर (पीबीएनएस - शब्द) पदा

फावट मुखेल खबरो

म्हजे घर येवजण दर एकल्याच्या घरा मेरेन पावोन फुडले वेंचणुके मेरेन दर एकल्याच्या नावाचेर घर जातले, अशें आस्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंंत हांंणी दिलां.

गोयच्या फामाद St. fransic xavier च्या फेस्ताक आयज गोयासयत संसारभरातल्या भाविकांनी व्हडा आकड्यान हाजेरी लायील्ली

दिव्यांग लोकांक समान वागणूक दिल्यारच समाजाची खऱ्या अर्थान उदरगत जावंक शकता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणलां.

शिकपाची प्रक्रिया सोपी करपा खातीर दरेक शाळेन तंत्रगिन्यानाचो वापर करप म्हत्वाचें आसा अशें शिक्षण संचालनालयाचे उपसंचालक सिंधु प्रभुदेसाय हांणी सांगलें

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार